**Panaji national news 07 Aug 2026, ,6.30pm**

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी दरेका नागरिकाक आयज राश्ट्रीय हातमाग दीसा निमतान उलयताना हो दिस उमेदीन आनी खोशीन मनयपाचो उलो मारला. व्हिडियो संदेश शेअर करतना श्री मोदी हांणी सांगलें की 7 ऑगस्ट 1905 दिसा भारताच्या स्वातंत्र्याच्या संघर्शाचो एक भाग म्हूण स्वदेशी चळवळ सुरू जाली आनी सगळ्या थरांतल्या लोकांनी एकवटीत जावन ब्रिटीश सत्ते आड इतिहासीक झूज केलें. १९०५ वर्सा आयच्या दिसा सुरू जाल्ल्या स्वदेशी चळवळीचो उगडास करपाखातीर दर वर्सा ७ ऑगस्टक राश्ट्रीय हातमाग दीस मनयतात.आपल्या हातान कापड तयार करपी गरीब विणकार कुटुंबांक आनी कारागिरांक आदार दिवपाक तांणी लोकांक प्रोत्साहन दिलें. फुडें प्रधानमंत्र्यानी ह्या ल्हान आनी अर्थीक नदरेन वंचित आशिल्ल्या विणकामाच्या कुटुंबांक घटमूट करून आत्मनिर्भर देश उबारपाचें म्हत्व सांगलें.

फाल्यां आयआयटी दिल्लीच्या 57व्या दीक्षांत सुवाल्यान प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी वाटेकार जातले. जातूंत 587 पीएचडी विद्वानां सयत 3 हजारां वयर विद्यार्थ्यांक पदवी मेळटली. ते 'प्रेसिडेंट्स गोल्ड मेडल' आणि 'डायरेक्टर्स गोल्ड मेडल' ह्या सारखे संस्थेचे महत्त्वपूर्ण पुरस्कारुय प्रदान करतले. तशेंच आयआयटी दिल्लीच्या सोनीपत कॅम्पसांत एआय चालीत उच्च कार्यक्षम सुपरकंप्यूटिंग सुविधा “परम प्रज्ञा” चे उक्तावण प्रधानमंत्री करतले.

संसदेन सूक्ष्म, ल्हान आनी मध्यम उद्देग उदरगत (दुरुस्ती) विधेयक 2026 संमत केल्ल्यान , आनी लोकसभेन आयज ताका मान्यताय दिल्या. राज्यसभेन सोमारा हें विधेयक संमत केल्लें. दनपारां सभाघराची बसका जाली तेन्ना एम एस एम ईचे मंत्री जीतन राम मांझी हांणी सूक्ष्म, ल्हान आनी मध्यम उद्देग उदरगत कायदो, 2026 त आनीक दुरुस्ती करपा खातीर विधेयक मांडलें. फारीकपण कळाव सोडोवप

आनी वाद निवारण सोंपें करप हो विधेयकाचो हेत आसा. हे विशी उलयताना MSME चे आनंद कुमार हाणी म्हटला.

रेल्वे मंत्री अश्विनी वैष्णव हानी लोकसभेत माहिती दिल्या की, भारतीय रेल्वे दरवर्सा सुमार ५८ कोटी जेवणाची पुरवण करता आणि अन्नाच्या गुणवत्ते विशी सरासरी फक्त ०.०००८ टक्के कागाळी आसतात . फाटल्या तीन वर्सांत आयआरसीटीसीन दंडात्मक कारवाय केल्या, तातूंत पांच कोटी रुपयां परस चड दंड, 54 कारण दाखयात नोटीस दिल्यात , स कंत्राट रद्द केल्यात आनी कांय परवानोधारकांक बंदी घातल्या अशें तांणी सांगलें. रेल्वे आनी आयआरसीटीसीचे अधिकारी नेमान आनी अचकीत तपासणी करतात, जाल्यार बेस किचनांतले सीसीटीव्ही कॅमेरे अन्न तयार करपाचेर आनी नितळसाण मानकांचेर नियंत्रण दवरपाक मदत करतात.

संसदीय वेव्हार मंत्री किरेन रिजिजू हांणी सांगलें, विरोधकांच्या आडखळा उपरांतुय संसदेचीं दोनूय सभाघरां काम करतात आनी कायदेविषयक कामकाज सुरू आसा. लोकसभेन आयज सूक्ष्म, ल्हान आनी मध्यम उद्देग उदरगत (दुरुस्ती) विधेयक एम एस एम ई विधेयक संमत केल्ल्याची नोंद तांणी केल्या. काँग्रेस आनी हेर विरोधी पक्षांनी परत परत केल्य्ग्रा बोवाळक लागून आनी घोशणाबाजिक लागून चर्चा मर्यादीत उरता अशें रिजिजू हांणी सांगलें. पावसाळी अधिवेशन खासा अधिवेशनावरवी वाडोवपाचो प्रस्ताव ना अशें तांणी स्पश्ट केलें.

भारताचो ग्रँडमास्टर आर. प्रज्ञानंद अमेरिकेत आयोजित 'ग्रँड चेस Tour सेंट लुईस रॅपिड अँड ब्लिट्झ' सर्तीचो जैतीवंत थारला.20 वर्सां पिरायेच्या ह्या खेळगड्यान उप निमाण्या फेरयेंत उझबेकिस्तानाचो जावोखिर सिंडारोवा वांगडा बरोबरी करून 35 पैकी 23 गूण मेळोवन चॅम्पियनशीप मेळयली.पांच दिसांच्या सर्तीत ताणें आघाडी तिगोवन दवरली.

आयज वायव्य भारतांतल्या जायत्या वाठारांनी पावस पडलो. भारतीय हवामान खात्यान आयज दिल्ली खातीर yello alert जारी केला. तशेंच जम्मू-काश्मीर, लद्दाख, गिलगीत, बाल्टीस्तान, मुझफ्फराबाद, हिमाचल प्रदेश आनी उत्तराखंड ह्या वाठारांनी ह्या म्हयन्याच्या 12 तारके मेरेन पावस पडपाची शक्यताय आसा. हवामान एजन्सीच्या म्हणण्या प्रमाण ओडिशा, कोस्टल कर्नाटक, उदेंत मध्य प्रदेश, उदेंत राजस्थान, केरळ, माहे, साउथ इंटीरियर कर्नाटक आनी ईशान्य भारताच्या कांय वाठारांनीय व्हड प्रमाणांत पावस पडपाची शक्यताय आसा.